**शारांसयत गांवांचोय विकास जांवपाक जाय- राज्यपाल**

ता. 17 मार्च 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी "संपूर्ण गोंय यात्रा" कार्यक्रमाचो एक भाग म्हूण काल तिसवाडी तालुक्यातल्या दिवाडी जुंव्यावयल्या गांवांक घरकान्न श्रीमती रिता पिल्लई हांच्या वांगडा भेट दितलें.

राज्यपालान पयली नावेली दिवाडेच्या श्री गणपतीच्या देवळांत आनी उपरांत गोलती पियादादे हांगांच्या अवर लेडी ऑफ पायटी चर्चीक भेट दिवन प्रार्थना केली.

राज्यपालान आपल्या भेटीत गोंयच्या विलक्षण आनी समृध्द संस्कृतीची तोखणाय करतना गोंयचे लोक बऱ्या मनाकाळजाचे आशिल्ल्याचे म्हणलें. जेन्ना आपूण गोंयची देवळां आनी चर्चीनीं भेट दिता तेन्ना आपल्याक विविधतायेत एकजूट आनी परंपरेचे दर्शन घडटा. गोंयांत वेगवेगळ्या जाती-धर्माचे लोक एकवटान आनी भावपणान रावतना आपूण पळयता, अशें राज्यपालान म्हणलें.

"संपूर्ण गोंय यात्रा" कार्यक्रमाचो उद्देश सांगतना राज्यपालान म्हणले, खरी लोकजीण आमकां गांवांनी पळोवक मेळटा. गांवांतलें कश्टकरी लोक उमेदी आनी आपल्या समाजाप्रती बांदील आसतात. गांव आत्मनिर्भर जालें जाल्यार देशाचो खऱ्या अर्थान विकास जातलो, अशें महात्मा गांधीजी म्हणटालें. त्या खातीर शारांसयत गांवांचोय विकास जांवपाक जाय. आयज म्हाकां गोंयच्या लोकांची सेवा करपाक चड उमेद जाता, अशेंय राज्यपालान म्हणलें.

उपरांत राज्यपालान गोलती नावेली ग्रामपंचायत कार्यालयांत गोलती नावेली आनी सां-माथियास ग्रामपंचायतीच्या पंच वांगड्यांकडेन संवाद सादतना गांवची उदरगत आनी समस्यां जाणून घेतल्यो आनी लोकांच्यो समस्यां सरकारामूखार मांडपाचे उतर दिले.

ह्या वेळार कुंभारजूवेंचे आमदार श्री. राजेश फळदेसाय, गोलती नावेलीचे सरपंच श्री. मारियो पिंटो, सां-माथियासचे सरपंच श्री. मोहन वळवयकार, हेर पंच वांगडी, राज्यपालांचे सचीव श्री. मिहिर वर्धन आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार राज्यपालान दिवाडेच्या लार सांता मारगारिदा संस्थेक आनी ओमश्री शक्तिविनायक देवस्थानाक तशेंच एका डायलीसिस दुयेंतीक अर्थिक मदत भेटयली.

राज्यपालान मळार हांगांच्या फातराच्या वास्तुशिल्पाकय भेट दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/180

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji